## कुडचड्यार मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं सरकार तुमच्या दारी कार्यक्रमाचे उक्तावण

ता. 13
नोव्हेंबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं आयज कुडचडे हांगा आयोजीत "सरकार तुमच्या दारी" कार्यक्रमाचे उक्तावण जाले. कार्यक्रमाक थळाव्या नागरिकांकडल्यान उपाट प्रतिसाद मेळ्ळो. सरकारी अधिकाऱ्यांनी नागरिकांक विंगड विंगड सरकारी कल्याणकारी येवजणांचो लाव घेवपाविशीं मार्गदर्शन आनी सहकार्य केले.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी लोकांनी राज्य तशेंच केंद्र सरकाराच्या कल्याणकारी येवजणांचो लाव घेवन आत्मनिर्भर जावपाचो उलो मारलो. लोकांक सरकाराच्या कल्याणकारी येवजणांची म्हायती करून दिवन तांचो लाव घेवपाक मदत करपा खातीर राज्यांत "सरकार तुमच्या दारी" कार्यक्रमांचे आयोजन करपात येता, अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं कुडचडे मतदारसंघातल्या विंगड विंगड येवजणांच्या लावधारकांक अर्थीक मदत वितरीत केली.

वीजमंत्री श्री. निलेश काब्राल आनी भौशीक बांदकाम मंत्री श्री. दीपक पाऊसकर हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती रूचीका कात्याल आनी हेर वरिश्ठ सरकारी अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ले.

उपरांत मुख्यमंत्र्यान स्वयंपूर्ण मित्रांची बसका घेवन स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमाच्या कामाचो नियाळ घेतलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/946

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji